प्रादेशिक खबर

29.08.2025 @7.20 pm

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज नवी दिल्लीत भौशीक क्षेत्रातल्या उपक्रमांक २०२२-२३ चा स्कोप एमिनन्स पुरस्कार प्रदान केलो.
- जपान हे तंत्रज्ञानाची महासत्ता आसा आणि भारत प्रतिभेची महासत्ता अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हानी म्हणला
- मंगळूर हांगाचे नामनेचे संगीतकार आनी कोंकणी साहित्यीक एरिक ओझारियो हांकां आयज दनपरां मंगळूर हांगा मरण आयलें.
- आयज राश्ट्रीय खेळां दीस.

## Prez

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज नवी दिल्लीत भौशीक क्षेत्रातल्या उपक्रमांक २०२२-२३ चा स्कोप एमिनन्स पुरस्कार प्रदान केलो. या मेळाव्यात उलयताना राष्ट्रपती मुर्मू हाणी म्हणले की, स्वातंत्र्यापासून भौशीक क्षेत्रातले उपक्रम आर्थिक विकास आणि सामाजिक समावेशनाचे एक शक्तिशाली साधन जाला. ताणी म्हणले की, भौशीक क्षेत्रातल्या उपक्रमांनी औद्योगिकीकरण, मुळाव्यो सुविधा विकास, सामाजिक वाड आणि संतुलित प्रादेशिक विकासाची बुन्यादुय घाल्या. केंद्रीय अर्थ राज्यमंत्री पंकज चौधरी हाणी म्हणले की, भौशीक क्षेत्रातले उपक्रम राष्ट्र उभारणीत महत्त्वाचे योगदान दिन आणि जागतिक स्तराचेरय छाप सोडटा .

## PM Japan

जपानी तंत्रज्ञान आणि भारतीय प्रतिभेचे संयोजन या शतकातल्या तंत्रज्ञान क्रांतीचे पुडारपण करू शकता अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणले. टोकियोत भारत-जपान आर्थिक मंचात उलयताना मोदी हाणी म्हणले की, जपान हे तंत्रज्ञानाची महासत्ता आसा आणि भारत प्रतिभेची महासत्ता. भारतान एआय, सेमीकंडक्टर्स, क्वांटम कॉम्प्युटिंग, बायोटेक्नॉलॉजी आणि अवकाशात धाडसी आणि महत्त्वाकांक्षी उपक्रम हातात घेतल्यात.byte eco forum

संरक्षण आणि अवकाश क्षेत्रां उपरांत, भारत अणुऊर्जा क्षेत्र खाजगी क्षेत्रा खातीर उक्ते करता.जपान सदाच भारताच्या विकास प्रवासात एक महत्त्वाचो भागीदार आसा.

महानगरांपासून उत्पादनापर्यंत, सेमीकंडक्टर्सपासून स्टार्टअप्सपर्यंत, ही भागीदारी प्रत्येक क्षेत्रात परस्पर विश्वासाचे प्रतीक आसा अशे मोदी हाणी म्हणले.

DIP

'सांगोड उत्सव' या पारंपारिक सांस्कृतिक उत्सवाच्या फाटभुयेर  कुंबभारजुआ कालव्यात कार्यरत असलेल्या (गरज सेवा दिवपी सोडून) चलपी सगल्यो बार्ज/बोटींक 30 ऑगस्ट क सांजवेळा 5.00 ते 31 ऑगस्ट सांजवेळा 7.00 मेरेनच  परवानगी दिल्या. वयल्या तारखानी बाणस्तारी  सावन नव्या गावांडाली  - कुंबभारजुआ पुला मेरेन कुंबरजुआ कालव्यांतल्यान वयल्या तारको आनी ते  वेळार प्रवास करचो न्हय आनी गस्त घालपी बोटींनी दिल्ल्या सुचोवण्यांक खरपणान पाळो दिवचो असो  सल्लो दिला . दिसां तांबडे बावटे दाखोवचे आनी रातच्या वेळार गस्त घालपी बोटींच्या मास्टचेर फावो ते रातचे संकेत दिवे लावचे.

DIP

उत्तर गोंय जिल्हो, पणजीच्या जिल्हाधिकारयान फिट स्वॅगर्स गोंय आनी सीरियस अबाउट ट्रेनिंग हांच्या सहकारान 30 ऑगस्टक सकाळीं 6.00 वरांचेर एसबीआय गोंय विद्यापीठ फांट्या लागसार राष्ट्रीय खेळां दिसा निमतान एक वराची रोड रन कार्यावळ घडोवन हाडल्या. रोड रन  एसबीआय गोवा विद्यापीठ फांटो ताळगांव - जीएमसी टर्नांकडच्यान सुरू जावन मणिपाल हॉस्पिटलाचे वटेन वळून परतून एसबीआयकडे  येतली. रोड रनात भाग घेवप्यांनी आपलीं वाहनां नियुक्त पार्किंग वाठारांत (शामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियम लागसार) उबीं करचीं, जाका लागून हेर वाहनां आनी सामान्य लोकांच्या येरादारींत आडमेळीं येवचीं न्हय.

सुभाष

काल देड दिसांच्या गणपतीचे विसर्जन जाले. आता 5, ७ ,9 11 आणि 21 दिसांचे गणपती उरल्यात . राज्यांत चवथीचो उत्सव मनोवप चालू आसतानाच हो उत्सव चडान चड पर्यावरण पूरक करपाक आता गोंयकार मुखार सरल्यात. केरी – फोणेंचे आनंद उपाध्ये फाटली तीन वर्सा पर्यावरण पूरक सजावट करतात. ओंदू तांनी देवीच्या पारंपारीक रथाची प्रतिकृती तयार केल्या.

## सुशांत

मंगळूर हांगाचे नामनेचे संगीतकार आनी कोंकणी साहित्यीक एरिक ओझारियो हांकां आयज दनपरां मंगळूर हांगा मरण आयलें. तांची पिराय ७६ वर्सां आशिल्ली. भलायकेच्या कारणाखातीर तांकां मंगळूर हांगाच्या हॉस्पिटलात दाखल केल्ले. थंयच तांचेर उपचार चालू आसताना आयज दनपरां ते संवसाराक अंतरले.ओजारिओ हांणी कोंकणी संगीतांत म्हत्वाचें योगदान दिला आसून मंगळूरांत मांड-सोभाण नांवाची संस्था स्थापन करुन आनी तातूंतल्यान राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार कार्यावळी सादर केल्ल्यो. कानडी कोकणी लिपीच्या साहित्याक साहित्य अकादेमीकडल्यान मान्यताय मेळची हे खातीर तांणी चळवळ केल्ली. तांच्या फाटल्यान घरकान्न जॉयस फान्तीस, धूव डॉ. रश्मी किरण आनी पूत रितेश किरण असो घराबो आसा.

ओजारिओ हांणी कोंकणी चळवळीच्या प्रचारांत व्हड वावर केल्लो. १९९४ वर्सा मंगळूरांत जाल्ल्या पयल्या संवसारीक कोंकणी संमेलनाचे ते वांटो आसलें. तांच्या वावराखातीर कोंकणी कला सम्राट, कोंकणी रत्न, कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादमी पुरस्कार अशे जायते पुरस्कार मेळ्ळयात. गोंयांतल्या कोंकणी कार्यकर्त्यांकडेनय ओझारियोचे लागींचे संबंद आशिल्ले. ते संवसाराक अंतरल्यान वेगवेगळया स्तरांतल्यान तांकां आगीं ओपल्यात.

## Dip

गोवा कोंकणी अकादेमीन वित्तीय वर्सा 2025-2026 खातीर वेगवेगळी येवजण जाहीर करून इत्सूक लेखक/प्रकाशकांकद्च्यान अर्ज मागयल्यात. हे येवजणे खातीर लेखी अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 26/08/2025 आशिल्ली, जी आतां 12/09/2025 मेरेन वाडयल्या. येवजण्यो अशो आसात. पयली चंवर येवजण- (लेखकाच्या पयल्या पुस्तकाच्या प्रकाशना खातीर 75% अर्थीक मजत), साहित्य प्रभा येवजण- (पुस्तक प्रकाशना खातीर 70% अर्थीक मजत), प्रतिभा सम्मान येवजण- (प्रकाशन सहाय- प्रकाशका कडल्यान पुस्तकां खरेदी खातीर )बाल साहित्य प्रकाशन - (पुस्तक प्रकाशना खातीर 70% अर्थीक मजत), कोंकणी नाटक - मांड येवजण - (पुस्तक प्रकाशना खातीर 75% अर्थीक मजत), लोकवेद पुस्तक प्रकाशन येवजण - (लोकवेद पुस्तकां उजवाडाक हाडपा खातीर 70% अर्थीक मजत) आनी शैक्षणिक साहित्य प्रकाशन येवजण - (शैक्षणीक पुस्तकां प्रकाशीत करपा खातीर 70% अर्थीक मजत), लिप्यंतरीत पुस्तकांचें प्रकाशन (60% अर्थीक मजत), अणकारीत पुस्तक प्रकाशना खातीर 70% अर्थीक मजत, क्लॉरिसा वाझ ई मोरेनास संशोधन शिष्यवृत्ती खाशेली पुस्तक प्रकाशन येवजण, संगीत साहित्य पुस्तक प्रकाशन येवजण, दुर्मिळ साहित्य पुनर्प्रकाशन, लोकवेद पुस्तक

प्रकाशन, अणकारीत पुस्तक प्रकाशन, लिप्यंतरण पुस्तक प्रकाशन, शैक्षणिक साहित्य प्रकाशन येवजण आनी वैचिक पुस्तक प्रकाशन आनी बाल साहित्य प्रकाशन अशो ह्यो येवजनयो आसात.

अकादेमीन जाहीर केलां की हे येवजणे खातीर अर्ज अकादेमीच्या कार्यालयांत, गोवा संचार भवन, बीएसएनएल इमारत, 5 व्या माळयार, पाटो, पणजी-गोंय हांगा उपलब्ध आसात.

स्पोर्ट्स डे

आयज राश्ट्रीय खेळां दीस. दर वर्सा 29 ऑगस्टाक हो दीस, महानहॉकीपटू मेजर ध्यानचंद हाच्या जयंती निमतान मनयतात. राष्ट्रीय खेळां दीस, २०२५चो विशय शांततापूर्ण आणि समावेशक समाजांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर खेळ हो आसा. खेळां आडमेळीं कशीं मोडूंक शकतात, संघटनात्मक वावर कसो वाडोवंक शकतात आनी प्रदेश, धर्म वा फाटभूंय हांच्या फरकां पलतडी वचून, लोकांक कशे एकठांय हाडूंक शकतात, ह्या विशयाचेर भर दिला. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आज राष्ट्रीय खेळा दिसानिमित्त शुभेच्छा दिल्यात. सोशल मीडिया पोस्टत मोदींनी भारतीय हॉकीचे दिग्गज मेजर ध्यानचंद हांका आदरांजली ओपली आणि म्हणले की तांचे दायज पिळग्यांक प्रेरणा दिता. तरुण प्रतिभेक पोषण दिवपी तळागाळातल्या कार्यक्रमांपासून ते जागतिक दर्जाच्या सुविधा निर्माण करपा मेरेन देशाच्या खेळा क्षेत्रात उल्लेखनीय परिवर्तन जाला. खेळाडूंक तेको दिवपाक मुळाव्यो सुविधा निर्माण करपाक आणि भारताक खेळा उत्कृष्टतेचे जागतिक केंद्र करपाक सरकार वचनबद्ध आसा हाचेरय, मोदीं हानी भर दिलो.

स्पोर्ट्स

गोयचो युवा पेवपी आहिल शेख हाची जपानात जावपी डिफलीमपिक्स २०२५ सरती खातीर निवड जाल्या. आहील हो श्रवण दोष गटातलो दिव्यांग पेवपी. १५०० मीटर फ्री स्टायल सरतीत भारताचे प्रतिनिधित्व तो करतलो.

लंडनात क्रेनफरड कॉम्मुनिटी कोलेजीत जाल्या गोवा फुटबॉल कप सरतीत 28 दादले आणि 3 बायला पगडान वाटो घेतलो. बायला गटान विजेते पद पटकायले.

## Weather

भारतीय  हवामान खात्यान गुजरातात  आयज काय सुवातींनी पावस पडपाचो अदमास काडला. फुडले 7 दिस उदेंत राजस्थान आणि उत्तराखंडातल्या काय सुवातींनी  व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच आयज  कर्नाटकच्या दर्यादेग सुवातींनी , केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उत्तर प्रदेश, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल आनी ईशान्येक घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.